

# || अथ श्रीसाईसच्चरीत || अध्याय ४३ ||

|| श्रीगणेशाय नमः || श्रीसरस्वत्यै नमः || श्रीगुरूभ्यो नमः || श्रीकुलदेवतायै नमः || श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः || श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः || फाटल्या अध्यायांत जालें निरुपण । संतसाईसमर्थ–निर्वाण । आतां जें बाकी अपूर्ण । जातलें पूर्ण तें ह्या अध्यायांत ।।१।। साई कडेन प्रेम अद्भूत । ताचोय निर्मातो तोच समर्थ । हेमाड ताचे चरणीं [1]अनुरक्त । पिंतारता ताचें चरीत ।।२।। तोच दिता भक्तीप्रेमा । तोच वाडयता चरित्रमहिमा । ताकाच लागून गौरव भजनधर्मा । पावता मोक्षाक संवसार ।।३।। म्हणून कायेन वाचेन मनान । ताका म्हजें सहस्रान्त नमन । अशक्य चिंतप ताचें महिमान । वच्चो फकत शरण अनन्य ।।४।। तुंबला पापांचो मळ । तो काडपाक धुवन सकळ । करपाक अंतर्मन निर्मळ । साधनां हेर निश्फळ ।।५।। करप हरिभक्तयश स्मरण । ताचें भजन वा किर्तन । ताचे बगर चित्तशुद्धीक साधन । सोंपें ना आनीक सोदल्यार ।।६।। आसूं, फाटलें कथा आख्यान । करुया संकलीत [2]पर्यालोचन । साई निजानंदावस्थान । चलोवया फुडें हें व्याख्यान ।।७।। फाटीं पूर्ण जालें कथन । विजयादसमिकूच कित्याक प्रयाण । तात्याबा निमतान भविश्य निवेदन । पयलींच जालें कशे तरेन ।।८।। फुडें जावपा वेळार देहावसान । राखून धर्म अवधान । कशें लक्ष्मीक केलें दान । जालें निरुपण पुराय ।।९।। आतां ह्या अध्यायांत कथन । कशें लागीं येतकूच मरण । साई करीत रामायण श्रवण । हिता खातीर ब्राह्मणा कडल्यान ।।१०।। कशें समाधी सुवात–नियोजन । कशें अलक्षीत वीट–पतन । कशें

---

१. तत्पर. २. विचार.

समाधीचें–नियोजन । आयकात ध्यान दिवन ॥११॥ तशेच एकदां ब्रह्मांडांत प्राण । तीन दीस बसले चडोवन । समाधी कसली, तेंच देहावसान । ठाम समजले लोक सगले ॥१२॥ लागले उत्तरविधीचे तयारेक । जाले बाबा जागे अचकीत । लोक सगले अजापभरीत । जाले कशे ते आयकात ॥१३॥ आसूं, ही निर्वाणकथा । श्रोते कश्टतले आयकल्यार आतां । ही तर देहावसनाची वार्ता । आवडना आयकुपाक कोणाकूच ॥१४॥ पूण हें साधूसंतांचें निर्वाण । सांगप्याक आयकुप्याक करतलें पावन । विस्तार भंयान वांट्याचेंच श्रवण । करचें समाधाना खातीर ॥१५॥ देहत्यागान [1]अगम्यगती । निजप्राप्ती सुखाची वसती । बाबा पावले अक्षय स्थिती । पुनरावृत्ती विरयत ॥१६॥ देहधारणेन आसले व्यक्त । देह त्यागून पावले अव्यक्त । जरी एका आंगाचो अवतार समाप्त । सर्वांग सुव्यक्त लाभलें ॥१७॥ एका देशीयत्वाक मुकले । सर्वांगतत्वाक पावले । पूर्णपणान सनातन जाले । निजीं समरसले निजतत्वान ॥१८॥ साई सगल्यांचें जिवन । साई सगल्यांचो जीव प्राण । साई बगर गांवूच पुरायेन । गेलो जावन हीन दीन ॥१९॥ देह पडटकूच [2]निचेश्टीत । जालो एकूच आकांत । जाणटे भुरगे चिंताक्रांत । जालो प्राणान्त सगल्यांचोच ॥२०॥ थंडी जोर ह्यो लोकिकी बादा । फाटीक लागतात [3]प्रपंचबद्दा । योग्यांचे वाटेक [4]कदा । करिनात धाडस वचपाचें ॥२१॥ प्राणशक्त दिवन निजतेजाक । संत जाळटात स्वताचे कुडीक । तोच प्रकार स्वताक । केलो पळयात श्रीसाईंनी ॥२२॥ जावपाचें न्हय तें जावन गेलें । म्हाराज [5]सायुज्यीं समरसले । लोक सगले तळमळ्ळे । कळवळ्ळे भोव मनांत ॥२३॥ बरें जावपाचें वचूंक [6]नासलों । निमाण्या खिणाचे भेटीक मुकलों । कसल्या तरी

---

१. विचारशक्तीचे भायली. २. हालचाल थांबिल्लो. ३. तुमचे आमचे सारक्या प्रपंचांत आशिल्ल्यांचे. ४. केन्नाच.

५. चतुर्विध मुक्तींतली एक. जिवाचें ईश्वरा कडेन तादात्म्य करपी. ६. नासल्यार.

उपेगाक येतलों आसलों । भुरळ पडली कळना कशी ॥२४॥ अशां विचारांचे गर्देंत । खिन्न जालो दरेकलो मनांत । किर्तें बाबांच्या अंतस्कर्णांत । कळटलें कशें तें कोणाक ॥२५॥ ना घरघर ना स्वास । ना खोकली ना कास । जालिना जिवाची कासावीस । केलें प्रयाण खोसयेन ॥२६॥ आतां कसलें साईदर्शन । खंयचें चरण [1]संवाहन । खंयचें [2]साईचरणक्षालन । तीर्थ पियेवप तें कोणाचें ॥२७॥ तरीय मागीर त्या भक्तांक प्रेमळ । आयिल्लो पळोवन अंतवेळ । लायली कित्याक तांकां तळमळ । केले पयस आसतना लागीं ॥२८॥ सगलीच प्रेमळ भक्तमंडळी । पळोवन तांकां लागीं अंतवेळीं । घडये बाबांच्या प्रेमाक [3]उसळी । शकताली येवपाक म्हणून ॥२९॥ पावपाक सायुज्य [4]सदन । येता आडवें प्रेमबंधन । वेळारूच केलेंना ताचें छेदन । जाल्यार मन निर्वासन जायत कशें ॥३०॥ अशें घडनासतना देह पडलो । रोखडोच चडलो जीव धडधडलो । तत्काळ नवो संवसार जडलो । बाजार उगडलो वासनेचो ॥३१॥ टाळपाक हो प्रकार । साधूसंत सादूर निरंतर । बाबांच्याय मनाचो निर्धार । लोकवेव्हार राखपाचो ॥३२॥ निमाण्या वेळार हीच जागरूकता । शांतता आनी एकांतता । ध्येयमुर्ती येवची चित्ता । आडखळी विरयत ॥३३॥ ''अंते मतिः सा गतिः'' । हें प्रसिद्द सगले जाणटात । भगवद्भक्त स्वता आचरतात । लोकसंग्रह–रितीन हे ॥३४॥ वेळ चवदा दिसांचो उरलो । काळ बाबांचो लागीं आयलो । म्हणून बाबांनी [5]वझेक आपयलो । वाचपाक ग्रंथ रामविजय ॥३५॥ मशिदींत वझे बसले । पोथी–पारायण सुरू जालें । बाबा आयकुपाक लागले । अशे सोंपले दीस आठ ॥३६॥ फुडें बाबा आज्ञा करीत । पोथी अशीच चालू दवरात । अशे तीन दीसरात । रावले वझे ती वाचीत ॥३७॥ पूर्ण इकरा दीस बसले । फुडें ते अशक्तपणान थकले । वाचतां वाचतां उबगले । गेले अशे तीन

---

१. चेपप. २. धुवप. ३. उमाळो. ४. घर. ५. ह्या आडनांवाचो बाबांचो एक भक्त.

दीस ॥३८॥ फुडें बाबांनी कितें केलें । पोथीवाचन सोंपोवंक सांगलें । वझ्यांक थंयच्यान धांवडावन घाले । शांत रावले आपूण ॥३९॥ धांवडावन घालपाचें कारण । म्हणटले श्रोते करात स्पश्टीकरण । करतां शक्य तितलें निवेदन । आयकात रावून जागरूक ॥४०॥ लागीं येतकूच देहावसान । साधूसंत आनी सज्जन । घेतात वाचून पोथीपुराण । आयकतात जागरूकतायेन ॥४१॥ शुकाचार्यान दीस सात । कथन केलें महाभागवत । आयकून संतुश्टलो राजा परीक्षित । सुखान अंत जालो ताचो ॥४२॥ भगवत लिला आयकतकूच । भगवंत मुर्ती दोळ्यांनी पळयतकूच । जाचो अंतकाळ जायत ताचोच । जालो साध्य निजस्वार्थ ॥४३॥ ही तर लोकप्रवृत्तीस्थिती । संत सदांच स्वता आचरतात । लोकसंग्रहमार्ग ते मोडिनात । किंबहुना अवतरतात त्याच हेतान ॥४४॥ जांकां हे भौतिकपिंडीत अनास्था । तांकां देहावसान अवस्था । नासता दुख्ख शोक [1]आवेगता । ही तांची सभावीकताय ॥४५॥ आसूं, हांगा श्रोते दुबावतात । ब्रह्मसुखान जे सुखावल्यात । तांकां मायामोहान स्पर्श करात । उतरां ही सोबत कशे तरेन ॥४६॥ जे स्वरुपांत सावधान । ‘‘अल्ला मालिक’’ धोरण । तांकां भक्तांचें लागीपण । आडायत कशे कोण ॥४७॥ तांचो तो प्रपंच सोंपलो । परमार्थूय थंयच थांबलो । द्वंद्वभाव समूळ गेलो । स्वता सांचलो स्वरूप ॥४८॥ अक्षरान अक्षर सगलें सत्य । हातूंत कुसकूट पसून ना असत्य । पूण लोकसंग्रह–अवतारकृत्य । करून कृतकृत्य संतजन ॥४९॥ संत षड्भाव–विकारवर्जीत । जे निरंतर अप्रगट आसत । भक्त उद्धारा खातीर प्रगटीभूत । तांकां खंयचें मरण ॥५०॥ देह इंद्रीय संयोग तें [2]जनन । देह इंद्रीय ताटातूट तें मरण । हें पाशबंधन वा [3]उकलन । जल्म–मरण नांव तांकां ॥५१॥ जल्माचे फाटीक दसलां मरण । एका परस ना दुसरें भिन्न । मरण जिवप्रकृतीलक्षण । जिवाचें जिवन ती

---

१. मनाची स्थिती. २. जल्म. ३. उलगडप.

विकृती ॥५२॥ मरण मरून जे उरतात । पांय काळाचे जे माथ्यार दितात । तांकां कसली पिराय मर्यादेची भिरांत । अवतरतात जे स्वेत्शेन ॥५३॥ भक्त कल्याण एक वासना । तातूंतल्यान जे घेतात अवतार [१]नाना । ते खंय आफुडटात जल्ममरणा । फट ह्यो कल्पना दोनूय ॥५४॥ देहपतना आदींच पळयात । जाणें देहाची केली राख । ताका कसली मरणाची भिरांत । मरण हें गोबर तांचे मुखार ॥५५॥ मरण ही देहाची प्रकृती । मरण ही देहाची सूखस्थिती । जीण ही देहाची विकृती । विचारात विचारवंतांक ॥५६॥ साईसमर्थ आनंदघन । खबर ना जांच्या देहाचें जनन । तांच्या देहाक कसलें मरण । देहस्फुरण ते वर्जीत ॥५७॥ साई परब्रह्म पूर्ण । तांकां कसलें जल्म–मरण । ब्रह्मसत्यत्वान जगन्मिथ्यापण । भान कसलें तांकां देहाचें ॥५८॥ प्राणधारणा वा विसर्जन । अलक्ष्यरुपान परिभ्रमण । हें तर स्वच्छंदयोग क्रिडण । भक्तउद्धारणा खातीर ॥५९॥ म्हणटात सूर्याक लागलें गिराण । जालो पळयात तो खग्रास पूर्ण । हो फकत नदरेचो दोश–गूण । संतांक मरण तशेंच ॥६०॥ देह ही फकत उपाधी । ताका कसली आधी–व्याधी । आसले बगर नशीब [२]अनुबंधी । ताची ना शुद्धी तांकाय ॥६१॥ भक्तपुर्वार्जितीत तो सांचला । अव्यक्तरुपान भक्तीन भरला । हो भक्त कैवारा खातीर प्रगटला । शिरडींत दिसलो तेन्नाच ॥६२॥ आतां भक्तकार्यार्थ सोंपलो । म्हणुनूच म्हणटात देह दवरलो । कोण ह्या उतरांचेर विस्वासतलो । गती कितें ह्या योग्याक ॥६३॥ इत्सामरणी श्रीसाई समर्थ । देह जाळ्ळो योगाच्या अग्नींत । स्वता समरसले अव्यक्तांत । रावले ते काळजांत भक्तांच्या ॥६४॥ जांचें नांवूच घेतल्यार पसून । जल्म–मरणाचो उरना अंश पसून । ताका मरणावस्था कसली म्हणून । पावता तो आदले अव्यक्ततायेक ॥६५॥ हुपून ही जडदेह स्थिती । बाबा समरसले अव्यक्तीं । थंयसरूय

---

१. तरेकवार. २. परस्पर संबंधी.

भोगतात स्वरूपस्थिती । जागयतात सदांच भक्तांक ।।६६।। सचैतन्य जो मुसमुसलो । भक्तांच्या काळजांत जो अढळ रावलो । त्या देहाचो कसो म्हणचो अंत जालो । म्हणणें हें पटना मनाक ।।६७।। म्हणून हो अनादी अनंत साई । अभंग रावतलो [1]विश्वप्रलयीं । जल्म–मरणांच्या अपायीं । पडचो ना तो केन्नाच ।।६८।। म्हाराज ज्ञानोबा खंय गेल्ले । तिनशें वर्सांनी दर्शन दिलें । [2]नाथम्हाराज मेळून आयले । उपकार केले जगाचेर ।।६९।। जशे ते नाथ कृपावंत । पैठणींची जाली ज्योत । तुकाराम म्हाराज देहूंत । आळंदींत नरसिंह सरस्वती ।।७०।। समर्थ रामदास परळींत । अक्कलकोटकर अक्कलकोटांत । प्रभुमाणिक हुमणाबादेंत । तशेच हे श्रीसाई शिरडींत ।।७१।। जाच्या मनांत जसो भाव । आयजूय ताका तसोच अणभव । हो सिद्धूच जाचो प्रभाव । कसलो ताका मरणभाव ।।७२।। तो हो भक्तकाज कैवारी । देह दवरलो शिरडी भितरीं । स्वरुपान भरला [3]चराचरीं । लिला अवतारी श्रीसमर्थ ।।७३।। आतां कितें आसा शिरडींत । समर्थ जाले ब्रह्मीभूत । असो दुबाव येवचो न्हय मनांत । सदां अमर ते श्रीसाई ।।७४।। संत नासतात गर्भातीत । परोपकारा खातीर प्रगट्टात । ब्रह्मस्वरूप मुर्तिमंत । भाग्यवंत अवतरतात ।।७५।। जल्म आनी मरणस्थिती । अवताऱ्यांक केन्नाच नासता ती । कार्य सोंपतकूच वतात स्वरुपीं । समरसतात अव्यक्तांत ।।७६।। देह हो फकत साडेतीन हात । बाबा कशे तातूंत आसपावत । ते खासा वर्ण स्वरुपयुक्त । उलोवप हें अयोग्य ।।७७।। [4]अणिमा–[5]गरिमा असल्यो अश्टसिद्धी । आयिल्ल्या गेल्ल्याक [6]क्षय ना बुद्दी । स्वताच अखंड जाची समृद्धी । अशी प्रसिद्धी तांचीय ।।७८।। अशा महानुभावांचो उदय । लोककल्याण होच [7]आशय । उदयाक आसा स्थिती

---

१. विश्वाच्या विनाशा मेरेन. २. एकनाथ म्हाराज. ३. चराचरांत. ४. आपले कुडीक इत्शे प्रमाण सुक्षीम रूप दिवपाची शक्त.
५. भारदस्तपण. ६. नाश. ७. हेत.

विलय । लोकसंग्रहमय ते संत ॥७९॥ जल्मभ्रांती [1]मरणभ्रांती । आत्म एकत्व अविनाशी स्थिती । सपनांतली सूखसंपत्ती । तीच परिस्थिती तांचीय ॥८०॥ नाजाल्यार जो ज्ञाननिधान । सदांच जाका आत्म अनुसंधान । ताका देहाचें [2]संगोपन । आनीक पतन सारकें ॥८१॥ आसूं, पडलें बाबांचें शरीर । कोसळ्ळो दुख्खाचो दोंगर । रडारड शिरडीभर । जालो आकांतूच आकांत ॥८२॥ आयकून बाबांचें निर्वाण । खबर पातळ्ळी जशे बाण । पडले सगले वेवसाय बंद । जाली धांवपळ सगल्याक ॥८३॥ पातळटकूच ती अमंगळ [3]बात । सगल्यांचेर जसो जालो वज्रघात । विचारी बसले शांत । हेरांनी आकांत मांडलो ॥८४॥ भोव आवडीच्या त्या वैभवा पासत । गळो दाटलो काळीज पिळीत । दुख्खाचीं दुकां दोळ्यांतल्यान वतत । ''शीव शीव हरे'' म्हणीत सगले ॥८५॥ घराघरांत रडारड । उसळ्ळी आकांताची गडबड । हड्ड्यांत भरली धडधड । लोक धांवले आकांतान ॥८६॥ म्हाराजांचें देहावसान । जशें पूर्ण गांवाचेंच मरण । म्हणलें देवा हो प्रसंग दारूण । कित्याक म्हूण आमचेर हाडलो गा ॥८७॥ जो उठलो धांवत सुटलो । मशिदीचो माटोव गर्देन भरलो । काळीज पिळपी तो प्रसंग सगलो । गळो दाटलो दुख्खान ॥८८॥ गेलें शिरडीचें वैभव सरलें । सूखसौभाग्य सगलें शेणलें । दोळे सगल्यांचे दुकांनी भरले । सुटलो धीर दरेकल्याचो ॥८९॥ कितली ते मशिदीची महती । [4]सप्तपुऱ्यांत जिची गणटी । म्हणटाले जिका 'द्वारकामाई' । बाबा उलोवपांत सदांच ॥९०॥ आसूं, निर्याण निर्वाण वा मरण । द्वारका सायुज्यमुक्तीचें स्थान । जाचें ईश्वरांत नित्य [5]अनुसंधान । ताका अवस्थान ह्या जाग्यार ॥९१॥ तो हो गुरूराज साईराय । भक्त कनवाळू बापमाय । भक्तांक विश्रांतीचो [6]ठाय । याद येता ताची सदांच ॥९२॥ बाबां बगर शिरडी [7]ओस । धाय दिशा शुन्य उदास । कुडींतल्यान जीव जातकूच पयस । गेलें तेज तें

---

१. विसर. २. पालन, सांबाळ. ३. खबर. ४. अयोध्या, मथुरा, माया, काशी, कांची, अवंतिका आनी उज्जैनी. ५. चित्त. ६. जागो. ७. रिती.

शिरडीचें ।।९३।। सुकतकूच तळ्यांतलें उदक । तळमळटा भितरलें जीव एकानएक । तशेच जाले शिरडीचे लोक । कलाहीन पूर्ण उदास ।।९४।। तळें सोबना कमळा बगर । घर रितें भुरग्या बगर । वा देवूळ दिव्या बगर । तसो मशिदीचो वाठार तेन्ना ।।९५।। काय घरधनया बगर घर । काय राजा बगर नगर । वा द्रव्या बगर भांडार । शिरडी अरण्य बाबां विणें ।।९६।। आवय जशी अर्भकाक । वा पावस चातकाक । तेंच प्रेम शिरडीच्या लोकांक । तशेंच सगल्या भक्तांक ।।९७।। शिरडी जाली कलाहीन । मेल्ले भशेन हीन दीन । उदका विणें जशें मीन । तशे लोक तळमळटाले ।।९८।। सोडटकूच घोवान बायलेक । वा आवयन दुदाच्या भुरग्याक । जशीं वासरां चुकतात गायेक । ल्हान व्हडांक ते भशेन ।।९९।। दुख्ख अवस्था ही आकांताची । जाली समेस्त शिरडीच्या लोकांची । गल्ले गल्लेंत धांवपळ सगल्यांची । लोक चारूय वटयां धांवताले ।।१००।। साईंक लागुनूच शिरडी पवित्र । साईंक लागुनूच शिरडी चरित्र । साईंक लागुनूच शिरडी क्षेत्र । साईच आदार सगल्यांक ।।१०१।। कोण करताले आक्रंदन । कोण थंय घेताले लोळण । कोण पडटाले घुंवळ येवन । गेल्ले दुख्खान भरून सगले ।।१०२।। व्हांवतालीं दुकां भरुभरून । दादले अस्तुऱ्यो भोव उद्विग्न । सोडून आपलें खाणजेवण । जाल्लीं दुख्खी कश्टी सगलीं ।।१०३।। पळोवन बाबांची अवस्था । ग्रामस्थांक परमावस्था । जाणटे भुरगे भक्तांचेर समस्तां । कोसळिल्लो दोंगर दुख्खाचो ।।१०४।। जंय कथा गोड रसाळ । जंय सदांची खोस उपाट । जंय रिगपाक मेळनासली वाट । ती मशीद दिसताली उदास ।।१०५।। ‘‘नित्यश्री नित्यमंगल’’ । आसली आदीं जी शिरडी सकळ । बाबाच एक कारण मूळ । म्हणुनूच हळहळ ग्रामस्थांक ।।१०६।। आनंदकंदा आनंदविग्रहा । भक्तकार्या खातीर धरलो देहा । तो हेत साध्य करून अहाहा । पावलो दुसऱ्या देशांत ।।१०७।। आठूय प्रहर

[१]निरलस । कळकळीचो हीत उपदेश । करीत आसताले रातदीस । भ्रम आमकां तेन्ना ॥१०८॥ जशें उदक उमथ्या कळशार । तसो उपदेश आमचे खातीर । गेलो व्हांवून वयलेवयर । गेलोना भितर थेंब पसून ॥१०९॥ ''तुमी कोणाकूय उलयल्यार वायट । लागता रोखडेंच म्हज्या मनाक'' । तुमचे हे नमळायेचे सांगणेक । घेतलेंना आमी कानामनार ॥११०॥ अशे आमचे गुन्यांव कितले । सांगणें ना आमी तुमचें मानलें । ताचें प्रायश्चीत हें असलें । दिलें व्हय तुमी आमकां ॥१११॥ बाबा त्या सगल्यांचें पाप । ताचें भरलें व्हय हें माप । आतां करून कितें पश्चाताप ॥ भोगचें नशिबांतलें आपले आपूण ॥११२॥ म्हणुनूच आमकां वाजेले । म्हणुनूच व्हय पड्ड्या आड गेले । काळाचें हें रागणें पडलें । अशें अचकीत आमचेर ॥११३॥ आड्डून आड्डून थकले । ताळो सुकोवन बसले । तरीय आमी सुस्त रावले । वाजेले व्हय तुमी तें पळोवन ॥११४॥ म्हणून आमचेर जाल्यात रागार । पडलो आदल्या प्रेमाचो विसर । वा [२]ऋणानुबंधाकूच आयली [३]ओसर । काय सुकलो पानो इश्टागतीचो ॥११५॥ इतले तुमी वतले सत्वर । कळिल्लें जर आदींच खीणभर । जावपाचे आमचेर उपकार । सादूर तरी आमी जावपाचे ॥११६॥ सगले सुस्त रावले । न्हिदो काडीत शांत बसले । अखेरेक हे अशे फसले । आसले नासले आतां सारकेच ॥११७॥ गुरूद्रोही आमी थारले । वेळार कितेंच नात करपाक पावले । शांत तरी बसतले । जाल्यार तेंय जमलेंना आमकां ॥११८॥ पयस पयसल्यान शिरडीक वच्चें । थंय चकाटां मारीत बसचें । तिर्थाक आयल्यात हेंच विसरचें । थंयसरूय वागचें भान सोडून ॥११९॥ तरातरांचे भक्त अनेक । ज्ञानी अभिमानी भावार्थी तार्कीक । जांकां सद्गुरुपान सगलें एक । नकळो जो भेद उण्या अदिकाचो ॥१२०॥ संवसारांत भगवंता बगर । नदरेंत ना जाच्या पदार्थ हेर । अशें जाचें देखणेपण खर ।

---

१. कार्यमग्न. २. इश्टागत ३. सुकती.

जो ना दुसरो स्वताय ॥१२१॥ भक्त हेय स्वता ईश्वर । हांव गुरूय, न्हय हेर । दोगांकूय स्वस्वरुपाचो विसर । भेद हे परस्पर ताका लागून ॥१२२॥ आमीय ईश्वरूच आसात प्रत्यक्षांत । पूण स्वरूप विसरल्यात परमार्थांत । हेंच मुख्य लक्षण भेद जावपांत । अधापतन तें हेंच ॥१२३॥ [1]सार्वभौम्याक सपन पडटा । भिक्षे खातीर दारादारांत भोंवता । निजबोध जावन जागो जाता । पळयता जाग्यारूच स्वताक ॥१२४॥ प्रवृत्ती ही जी जागृतायेंत । तीच निवृत्ती सपनस्थितींत । खरी जागृती निजअनुभुतींत । पूर्ण अद्वैतांत समरसप ॥१२५॥ ज्ञानी अज्ञानी सगले आश्रीत । सगल्यांचेर प्रेम अत्यंत । जिवापरसूय मानता [2]आप्त । भेद ना थंय इल्लो पसून ॥१२६॥ मनीसरुपान देवूच आसले । हें जरी अणभवाक हाडलें । तरीय सगले बळी पडले । ताच्या त्या कोडकवतुकाक ॥१२७॥ कोणाक दिली धनसंपत्ती । कोणाक संवसारसूख संतती । तातूंतल्यान पडली व्हड भ्रांती । मुकले ज्ञानप्राप्तीक ॥१२८॥ केन्नाय कोणाकूय जर हांसत । जाल्यार तो अभिमानान फुगत । की बाबांचें ताचेरूच प्रेम अद्भूत । करिनात तशे ते हेरांचेर ॥१२९॥ तेच कोणाचेर राग काडीत । म्हणटाले तांकां तो ना आवडत । आमचे विशींच आदर चड । दिनात मान तो हेरांक ॥१३०॥ अशे आमीच नंबर लायताले । बाबांच्या तें सपनांतूय नासतालें । बेठेच आमी अभिमानान वागताले । विसरून कृतकर्तव्याक ॥१३१॥ परब्रह्म मुर्ती सगूण । दैव आसतना उशा कडेन । खऱ्या कार्याचो विसर पडून । धरली प्रिती आमी विनोदांत ॥१३२॥ येतनाच बाबांचें दर्शन घेवचें । फळफूल चरणीं तांच्या ओंपचें । दक्षणा मागतकूच कचरचें । कडसरचें ल्हवूच थंयच्यान ॥१३३॥ सांगतना हिताच्यो गोश्टी । पळोवन आमची क्षुद्र दृश्टी । जाले दिसता खरेच कश्टी । गेले तत्काळ घरा आपल्या ॥१३४॥ आतां तुमची ती स्वानंदस्थिती परत । कशे हे दोळे

---

१. चक्रवर्ती राजा. २. सोयऱ्यांक.

पळोवंक शकत । गेली शेणली ती आनंदमूर्त । जाली अदृश्य जल्माजल्मांची ॥१३५॥ हो दारूण देखाव कर्माचो । अंतरलो सखो साई आमचो । निर्हेतूक दयासागर तांचे सारको । जालो पयस आमकां सासणाचो ॥१३६॥ ''छळप बरें न्हय कोणाक । दुखता तें म्हज्या मनाक'' । पाळिळंनात बाबांच्या ह्या उतरांक । केलीं झगडीं सुमारा भायर ॥१३७॥ छळ करतना भक्तां भक्तां । आमी मुकले साईनाथा । ताचो जाता पश्चाताप आतां । जाता स्मरण तांच्या उतरांचें ॥१३८॥ आठ वर्सांचो बाळ जनीं । प्रगट जातलों हांव कांय दिसांनी । अशें म्हाराजांनी भक्तां लागुनी । सांगिल्लें आसा स्वताच ॥१३९॥ ही आसा संतांची वाणी । फट मानची न्हय कोणी । कृष्ण अवतारांत चक्रपाणी । केली करणी अशीच ॥१४०॥ आठ वर्सांची सुंदर कात । चार भुजां आयुधां हातांत । देवकी फुडें बंदीशाळेंत । कृष्णमुर्ती प्रगटली ॥१४१॥ थंय कारण भूभारहरण । हांगा गरीब भक्तांचें उद्धारण । तरीय कित्याक दुबावाक कारण । अतर्क्य चातूर्य संतांचें ॥१४२॥ हो कितें एका जल्माचो निर्बंध । बात्तर पिळग्यांचो ऋणानुबंध । भक्तांचो बाबांनी पूर्वसंबंध । कथा [१]अनुबंध सांगला ॥१४३॥ अशे तरेन बांदून प्रेमफांस । गेल्यात दिसता म्हाराज प्रवासाक । येतले परतून हो पूर्ण विश्वास । आतां मनांत भक्तांच्या ॥१४४॥ साक्षात्कार अनेकांक । दृश्टांत, अणभव बऱ्याच जाणांक । चमत्कार तेच तरेन कैकांक । दाखयले गुप्त रुपान ॥१४५॥ [२]अभाविकांक गुप्त आसतात । भाविकांक जाग्यारूच दिसतात । जशे जे चित्तवृत्ती धरतात । अणभव तसोच रोखडोच ॥१४६॥ चावडेंत गुप्तरूप । मशिदींत ब्रह्मरूप । समाधेंत समाधीरूप । सूखस्वरूप सगल्याक ॥१४७॥ आसूं, [३]सांप्रत होच विस्वास । भक्तीन धरचो आपल्या जिवाक । भंग ना समर्थ साईंक । अक्षय राबितो अखंड ॥१४८॥ देव वतात निजधामाक ।

---

१. परस्पर संबंद. २. जे भावीक नात तांकां. ३. सध्याच्या काळांत.

ब्रह्मस्थिती जाग्यारूच संतांक । ते नकळो येवपाक वचपाक । समरसतात खोसयेंत ॥१४९॥ म्हणून ही विनंती करतां । नमळायेन नमस्कार करतां । ल्हानां व्हडांक सगल्यांक आतां । आयकात सादर चित्तान ॥१५०॥ घडची उत्तम श्लोकसंगती । गुरूचरणीं निश्काम प्रिती । गुरूगूण सांगपाची आसक्ती । भक्ती निर्मळ जावची प्रगट ॥१५१॥ जडची प्रिती अनवच्छिन्न । जावचे न्हय स्नेहपाश भिन्न । आसचे भक्त सूखसंपन्न । दीसरात गुरूचरणीं ॥१५२॥ आसूं, फुडें त्या देहाचें उचीत । करचें कितें तें निश्चीत । ह्याच विचारांत लोक समस्त । शिश्य, ग्रामस्थ लागले ॥१५३॥ श्रीमंत बुट्टी व्हड भावूक । जशे ह्या फुडल्या भविश्याचे स्मारक । उंच वाडो सुखकारक । दवरलो बांदून कायमचो ॥१५४॥ मागीर फुडें तें [1]कलेवर । खंय आसचें ह्या विशयाचेर । जावन छत्तीस वरां विचार । घडलें जें जावपाचें आसलें ॥१५५॥ एकलो म्हणटालो ह्या कलेवराक । हात लावंक दिवचो न्हय हिंदूंक । मुसलमानांच्या कबरस्थानांत । व्हरुया ताका सुवाळ्यान ॥१५६॥ दुसऱ्यान म्हणलें हें कलेवर । दवरुया व्हरून उगड्याचेर । थडगें एक बांदचें सुंदर । तातूंत कायम उरचें हें ॥१५७॥ खुशालचंद अमीर शक्कर । हांचोय आसलो तोच विचार । मात ‘‘वाड्यांत पडचें हें शरीर’’ । आसले हे उद्गार बाबांचे ॥१५८॥ पाटील रामचंद्र व्हड [2]करारी । तेय एक गांवचे अधिकारी । बाबांचे प्रेमळ सेवेकरी । सांगलें तांणी समेस्तांक ॥१५९॥ आसूं दी तुमचे विचार कितेंय । सगलेच आमकां ते मान्य नात । वाड्या भायर दवरूंक दिवचे नात । हेर कडेन खीणभरूय साईंक ॥१६०॥ हिंदू अडले धर्माचेर । मुसलमानांचोय तोच विचार । अशे योग्य अयोग्याचे चर्चा प्रकार । चल्ले पुराय रातभर ॥१६१॥ हे वटेन लक्ष्मणमामा घरांत । आसतना फांतोडेर न्हिदेच्या भारांत । बाबा धरून तांचो हात । म्हणपाक लागले ‘‘ऊठ, चल

१. मृत शरीर. २. पक्क्या मनाचे.

बेगीन'' ॥१६२॥ ''बापूसाहेब येवचे नात आयज । हांव अंतरलों हो तांचो समज । तूं तरी कर आयज । कांकड आरती आनी म्हजें पुजनूय'' ॥१६३॥ तत्काळ नित्यक्रमा प्रमाण । घेवन सगलें पुजेचें सामान । वेळार पावून लक्ष्मणमामान । केली तयारी पुजेची ॥१६४॥ गांवचे भट हे शिरडीचे । खाश्शे मामा माधवरावांचे । पुजन करताले नित्य बाबांचें । फांतोडेच्या वेळार ॥१६५॥ मामा व्हडले कर्मठ ब्राह्मण । फांतोडेर न्हावन धुवन । धर्वेफुल्ल वस्त्र न्हेसून । घेताले दर्शन श्रीसाईंचें ॥१६६॥ पादप्रक्षालन गंध अक्षता लावन । फूलपत्री तुळशी समर्पण । धूप दीप निवेद्य निरांजन । दक्षणा भेटयताले मागीर ॥१६७॥ प्रार्थनापुर्वक साश्टांग नमन । जातकूच घेताले आशिर्वचन । मागीर सगल्यांक प्रसाद दिवन । तिबो लावन ते वताले ॥१६८॥ थंयच्यान फुडें गजानन । शनिदेव उमारमण । मारुतीराय अंजनीनंदन । हांची पुजा करताले ॥१६९॥ अशे सगल्या ग्रामदेवां । नित्य पुजताले जोशीबुवा । म्हणून संपूर्ण पुजा त्या शवा । हाडली तांणी प्रेमभावान ॥१७०॥ मामा आदींच निश्ठावंत । तांचेर साक्षात हो दृश्टांत । आयले कांकड आरती घेवन हातांत । केलो नमस्कार साश्टांग ॥१७१॥ तोंडा वयलें वस्त्र काडून । करून सप्रेम निरिक्षण । हातपांय धुवन शुद्ध आचमन । सुरू केलें पुजन यथाविधी ॥१७२॥ मौलवी आदी मुसलमान । दिनात जाले करपाक पुजन । मामांनी दुर्लक्ष करून । लायलें गंध केली पुजा ॥१७३॥ कूड ही श्रीसमर्थांची । आपले आराध्य देवतेची । हिंदूची काय मुसलमानांची । नासलें मामांच्या ध्यानांतूय ॥१७४॥ पुज्य शरीर आसतना सजीव । तांचे पुजेचो केदो उत्सव । तेंच आतां जातकूच निर्जीव । पुजावैभव ना उपचारीक ॥१७५॥ तशांत पळोवन बाबांचें चिन्न । मामा आदींच दुखखान खिन्न । करपाक आयले निमाणें पुजन । परत दर्शन कुस्तार ॥१७६॥ आयलीं दुकां दोळ्यांतल्यान । करप अशक्य ते स्थितीचें परिक्षण । हातपांय

[१]कंपायमान । मन उदास मामांचें ।।१७७।। आसूं, आंवळिल्ल्यो मुठी उगडून । विडो दक्षणा तातूंत दवरून । कूड ती परत धांपून । मामा मागीर गेले परत ।।१७८।। फुडें मागीर दनपारची आरत । नित्यनेमा प्रमाण मशिदींत । बापूसाहेब जोग करीत । हेरां वांगडा श्रीसाईंची ।।१७९।। आसूं, हांगाच्यान फुडलें वृत्त । सांगप जातलें फुडल्या अध्यायांत । कसो बाबांचो देह संस्कारीत । भोव प्रशस्त जाग्यार ।।१८०।। कशी तांची ती आवडटी । भोव वर्सांची सांगाती । वीट फुट्टकूच दुश्चिन्नस्थिती । गेली सुचोवन [२]देहान्त ।।१८१।। कसो तो आयलो प्रसंग आतां । बत्तीस वर्सां आदींच येता । ब्रह्मांडांत प्राण चडयिल्लो [३]आसतां । कठीण अवस्था देहाक ।।१८२।। कशे म्हाळसापती भक्त । दीसरात बाबांक जपत । कशी सगल्यांनी सोडटकूच आस्त । उबे जाताले अचकीत ।।१८३।। अशें आमरण ब्रह्मचर्य । वागलो जो योगाचार्य । जो ज्ञानियांचो ज्ञानिवर्य । कितलें तें ऐश्वर्य वर्णुचें ।।१८४।। आसूं, अशी जांची महती । करुया ताका सद्भावान [४]प्रणती । हो दीन हेमाड [५]अनन्यगती । येता तांकां शरण ।।१८५।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । श्रीसाईनाथ निर्वाणं नांवाचो हो त्रेचाळिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ।।

।। श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।

❍ ❍ ❍

---

१. थरथरताले. २. मरण. ३. आसतना. ४. नमस्कार. ५. एकरूप जावन.